राजश्री कामत  राष्ट्रीय खबरो  १९.०२.२०२६ @ ८.४० am

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपमांत इंडिया एआय इम्पॅक्ट समिट 2026 उक्तावण करतले

नवी दिल्लीत जाल्या इंडिया इम्पॅक्ट समिट २०२६ त इलेक्ट्रॉनिक्स आणि माहिती तंत्रज्ञान मंत्रालयान एआय इम्पॅक्ट स्टार्टअप बुक लाँच केले

काल सांजवेळार देशांतल्या जायत्या वाठारांनी चंद्रदर्शन जाल्या  उपरांत आयज पवित्र रमजान म्हयन्याची सुरवात जाल्या

बायलांच्या क्रिकेटांत आयज कॅनबरा हांगा जावपी तीन मॅचींच्या मालिकेच्या दुसऱ्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारत यजमान ऑस्ट्रेलिये आड  खेळटलो.

एआय 170

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपमांत इंडिया एआय इम्पॅक्ट समिट 2026 उक्तावण करतले. उक्तावण सुवाळ्यांत फ्रेंच राष्ट्राध्यक्ष इमान्युएल मॅक्रॉन, संयुक्त राष्ट्र संघटनेचे सरचिटणीस आंतोनियो गुटेरेस आनी संवसारभरांतले वेगवेगळे मुखेल उद्देग फुडारी उलोवप  करतले. उक्तावण सुवाळ्या उपरांत ते इंडिया एआय इम्पॅक्ट एक्स्पोक भेट दितले. इंडिया एआय इम्पॅक्ट एक्स्पो २०२६ हो कल्पना, नवोन्मेष आणि हेतू हांचो एक शक्तिशाली संगम आसा अशे प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी सोशल मीडिया पोस्टात म्हणला.जागतिक हिताखातीर कृत्रिम बुद्धिमत्तेच्या फुडाराक आकार दिवपाक भारतीय प्रतिभेची असाधारण क्षमता या एक्स्पोत दिसून येता अशे ताणी म्हण्ला.मानवी प्रगती खातीर एआय चो जबाबदारीन समावेशकपणान आणि व्हडा प्रमाणात वापर करपाच्या सरकारच्या वचनबद्धते क हाका लागुन परत पुश्टी मेळटा अशे ताणी म्हळा. ए आय तल्या देशाची प्रगती फक्त देशा खातीर परिवर्तनकारी उपायांक आकार दितलो अशे न्हय तर जागतिक प्रगतीकय हातभार लायतलो अशे ताणी म्हळां.प्रधान मंत्री

नरेंद्र मोदीनी भारत मंडपमात जागतिक फुडऱ्यांचे स्वागत केले. इंडिया एआय इम्पॅक्ट समिटच्या उक्तावणा आदी ताणी भारत मंडपमात शिखर परिषदेत सहभागी जावपी  जागतिक फुडार्यांक येवकार दिलो मोदीनी संयुक्त राष्ट्रांचे सरचिटणीस अँटोनियो गुटेरेस आणि आयएमएफची व्यवस्थापकीय संचालक क्रिस्टलिना जॉर्जिवा हाकाय येवकार दिलो.

समिट 70

नवी दिल्लीच्या भारत मंडपांत जावपी इंडिया एआय इम्पॅक्ट समिट 2026 च्या नदरेन इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्रालयान आयज खातीर सामान्य सल्लागार जारी केला. सल्लागारांत नोंदणीकृत प्रतिनिधीं खातीर सुदारीत प्रवेश वेवस्था आनी सुरक्षा प्रोटोकॉलाची रुपरेखा दिल्या. उक्तावण सुवाळ्या खातीर वैध बॅज आशिल्ल्या आमंत्रितांक सकाळीं 6 वरां सावन गेट क्रमांक 4 वा गेट क्रमांक 10 वयल्यान प्रवेश मेळटलो अशें मंत्रालयान स्पश्ट केलें. सुरक्षा प्रोटोकॉलाक लागून तांकां बेगीन पावून सकाळीं 7:30 मेरेन प्रवेश करपाची सल्ला दिला .

वैष्णव 80

वास्तव जगांतले प्रस्न सोडोवपा खातीर भारत एआयचेर मुखेलपणान लक्ष केंद्रीत करता अशें केंद्रीय मंत्री अश्विनी वैष्णव  हाणी म्हणला. नवी दिल्लींत जाल्ल्या इंडिया एआय इम्पॅक्ट समिटाच्या तिसऱ्या दिसा संशोधन परिसंवादाच्या उक्तावण सुवाळ्यात उलयतना केंद्रीय इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी भारत वास्तव जगांतल्या समस्या सोडोवपा खातीर एआयचेर खरपणान लक्ष केंद्रीत करता अशे म्हणला. उद्देगांत उत्पादकता वाडोवपा खातीर आनी भलायकी जतनाय, शेतकी आनी हवामान बदल अशा लोकसंख्येच्या प्रमाणांतल्या आव्हानांक तोंड दिवपा खातीर देश एआय वापराक प्राधान्य दिता अशें तांणी सांगलें.
Byte

स्टार्टअप बुक 160

नवी दिल्लीत जाल्या इंडिया इम्पॅक्ट समिट २०२६ त इलेक्ट्रॉनिक्स आणि माहिती तंत्रज्ञान मंत्रालयान एआय इम्पॅक्ट स्टार्टअप बुक लाँच केले. हे पुस्तक भारताच्या आर्टिफिशियल इंटेलिजेंस आणि डीप-टेक स्टार्टअप इकोसिस्टमचे प्रमाण, विविधता आणि वाढती जागतिक उपस्थिती दर्श यता प्रकाशना फाटले उद्दिष्ट अधोरेखित करताना, मंत्रालयाचे अतिरिक्त सचिव अभिषेक सिंह हाणी म्हणले की, हे संकलन भारतात विकसित जात आशिल्या एआय सोल्यूशन्सचा एकत्रित संग्रह प्रदान करता जाका लागुन मंत्रालया, राज्या आणि संस्था त्यांच्या वास्तविक-जगातल्या कामगिरीचे मूल्यांकन करू.हे प्रकाशन स्टार्टअप्सच्या व्हड नमुन्यांतल्यान अंतर्दृष्टी सादर करता आणि क्षेत्र तंत्रज्ञान आणि भौगोलिक क्षेत्रांनी उदेते ट्रेंड अधोरेखित करता.

ओलाह 90

हंगेरीच्या राष्ट्रीय सभेचे उपाध्यक्ष डॉ. लाजोस ओलाह यांच्या फुडार पणा खालच्या ' संसदीय शिष्टमंडळान राज्यसभेचे उपाध्यक्ष हरिवंश यांची संसदेत भेट घेतली. भेटीवेळार हरिवंश यांनी भर दि लो की संसदीय सहभाग हो द्विपक्षीय संबंधांचो एक महत्त्वाचो आधारस्तंभ आसा. त्यांनी अशेय सांगले की अशे संबंध दोन्ही देशांच्या कायदेकर्त्यांमदी संवाद, सहमती निर्माण आणि परस्पर समजुती वाडोवन सरकारी कूटनीतिक पूरक थारतात. त्यांनी मार्च २०२४ त हंगेरीक दिल्या त्यांच्या भेटीची यादुय करून दिली आणि दोन्ही देशांमदी अधिक संसदीय देवाणघेवाण सुरू दवरपाची इच्छा व्यक्त केली. त्यांनी अधोरेखित केले की दोन्ही देश लोकशाही शासन, संविधानवाद, कायद्याचे राज्य आणि प्रतिनिधी संस्थांबद्दल वचनबद्ध आसात.

Ec 80

अस्तंत बंगालांत चालू आशिल्ल्या विशेष सघन सुदारणा (एसआयआर) प्रक्रिये खाला व्हड प्रमाणांत मतदारांचे ऑनलायन दस्तावेज अपलोड करूंक आयशस्वी झाल्याबद्दल संबंदीत वेंचणूक नोंदणी अधिकारी ERO आनी सहाय्यक वेंचणूक नोंदणी अधिकारी AERO हांकां कारण दाखय नोटीस जारी करपाचो निर्णय वेंचणूक आयोगान घेतला. एका अधिकाऱ्याच्या म्हणण्या प्रमाण सुनावणी चार दीस जाले उपरांत लेगीत सुमार एक लाख पंदरा हजार कागदपत्रां अजून अपलोड जावंक नात. खंयचोय अर्ज न्हयकारलो जाल्यार मागीर ताचें खाशेलें कारण स्पश्टपणान सांगचें अशें आयोगान सगळ्या ERO आनी AERO क स्पश्टपणान निर्देश दिल्ले.

रमजान 40

काल सांजवेळार देशांतल्या जायत्या वाठारांनी चंद्रदर्शन जाल्या उपरांत आयज पवित्र रमजान म्हयन्याची सुरवात जाल्या. आयज पवित्र म्हयन्याचो उपासाचो पयलो दीस आसतलो. पवित्र रमजान म्हयन्याचे सुरवेक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी शुभेच्छा दिल्या. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मोदी हांणी हो पवित्र म्हयनो समाजांत एकचाराची भावना वाडयतलो अशी आस्त उक्तायल्या.

शेखावत 130

केंद्रीय संस्कृती आणि पर्यटन मंत्री गजेंद्र सिंह शेखावत म्हणाले भारत आणि मंगोलिया मदली देवाणघेवाण ईतिहासिक दृष्ट्या धर्माच्या पलतडी गेल्या जातुन, खगोलशास्त्र, कॅलेंडर विज्ञान, विश्वविज्ञान, विधी भूमिती,वरवद आणि साहित्य आसपावता. दोन्ही देशांमदल्या राजनैतिक संबंधांना सत्तर वरसा पूराय जाल्यानिमित्त नवी दिल्लीत भारत आणि मंगोलिया मदल्या सांस्कृतिक आंतरप्रवाह या विषया वेल्या आंतरराष्ट्रीय परिषदेत उलयताना केंद्रीय संस्कृती आणि पर्यटन मंत्री गजेंद्र सिंह शेखावत हाणी म्हणले की ही परिषद सामायिक आध्यात्मिक आणि कलात्मक परंपरा आणि शाश्वत सांस्कृतिक परस्पर प्रवाहान आकार घेता

भारताक मंगोलियात दीर्घकाळापासून एक पवित्र स्थान म्हणून मानतात हस्तलिखित जतन करपाक संवर्धन विज्ञान आणि डिजिटल तंत्रज्ञानाचे एकत्रीकरण आवश्यक आसा हाचेर मंत्र्यांन उजवाड घालो. आणि म्हणाले की ही परिषद डिजिटल मानवतेत सहकार्याखातीर एक माची प्रदान करता. फुडारात बौद्धिक आणि नैतिक कल्पना शक्तीक आकार दिवपाक दायज सांबाळप गरजेचे आसा

मुर्मू 110

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी विशाखापत्तनम दर्यादेगेर आंतरराष्ट्रीय फ्लीट रिव्ह्यू 2026 चो नियाळ घेतलो.भारताच्या वाडत्या दर्या क्षमता आनी जागतीक नौदल सहकार्या खातीर ताची वचनबद्धताय हांचेर ताणी भर दिला.आयएनएस सुमेधा ह्या जहाजावेल्यान ताणी दर्यादेगेर नांगरून दवरिल्ल्या 71 भारतीय आनी विदेशी तारवांचे निरीक्षण केले. हे वेळार उलयताना राष्ट्रपतीन स्थिर दर्यावेवस्था सुनिश्चीत करपा खातीर राश्ट्रां मदीं एकचार, विस्वास आनी सामुहीक जापसालदारकेचें म्हत्व रेखांकित केलें. Byte

दर्यावेल्या मळार भारताचो वावर वसुधैव कुटूबकमाच्या संस्कृतायेच्या आचार संहितेंतल्यान चलता, अशें राष्ट्रपतीनी नदरेक हाडलें.

Byte

जयशंकर 40

जपानच्या परराष्ट्र व्यवहार मंत्रीपदार परत नियुक्ती झाल्याबद्दल परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर यांनी तोशिमित्सु मोटेगी यांचे अभिनंदन केले. सोशल मीडिया पोस्टतडॉ. जयशंकर हानी म्हणले की, विशेष धोरणात्मक आणि जागतिक भागीदारीखातीर भारत-जपान सहकार्य मुखार व्हरपाक एकठाय काम करपाक ते उत्सुक आसात.

स्पोर्ट्स 100

बायलांच्या क्रिकेटांत आयज कॅनबरा हांगा जावपी तीन मॅचींच्या मालिकेच्या दुसऱ्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारत यजमान ऑस्ट्रेलिये आड खेळटलो. मॅच दनपारा १.४५ क सुरू जातली.

आयसीसी दादल्यांच्या टी-20 क्रिकेट विश्वचषकांत काल रातीं अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमांर जाल्ल्या अ गटांतल्या निमाण्या मॅचींत गतविजेत्या भारतान नेदर्लंडसाक 17 धांवड्यांनी हारयलो. भारतीय गोलंदाज वरुण चक्रवर्ती हाणें तीन जाल्यार शिवम दुबेन दोन बळी घेतले. दुबेक त्याच्या प्रभावी अष्टपैलू कामगिरीखातीर सामनावीर म्हणून वेचलो

वेदर 50

भारतीय हवामान खात्यान आयज अंडमान आनी निकोबार जुंव्यांत वीजे सयत गडगड आनी नेटाचे वारे व्हावपाचो अदमास काडला. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण सोमारा मेरेन वायव्य भारतांतल्या कांय वाठारांनी चडांत चड तापमान दोन ते चार अंश सेल्सियस देंवपाची शक्यताय आसा.